# राष्ट्रीय खबरो 11.09.2025 @ 8.40 am

उपराष्ट्रपतीपदार वेचुन अयील्ले सी.पी. राधाकृष्णन हाणी २०४७ मेरेन भारताक विकसित राष्ट्र करपाक काम करपाचे वचन दिला

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंडाक भेट दितले.

नेपाळातल्या हिंसक संघर्ष आनी निदर्शनांच्या फाटभुयेर बिहार, उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंडांतल्या भारत-नेपाळ शिमेचेर सुरक्षा वाडयल्या.

दुबयंत जाल्ल्या आशिया कप 2025 च्या गट अ मॅचींत भारतान युएईचेर 9 विकेटींनी दणदणीत जैत मेळयलें

व्हीपी 60

उपराष्टपती पदाचे वेचणूक निकाला उपरांत सी पी राधाकृष्णन वेचुन आयिल्याचे वेचणुक निरीक्षण अधिकारी PC मोदी हांणी अधिकृत घोशणा केली **BYTE**

उपराष्ट्रपतीपदार वेचुन अयील्ले सी.पी. राधाकृष्णन हाणी दुसऱ्या क्रमांकाच्या संविधानिक पदावेल्या त्यांच्या निवडीचे वर्णन 'राष्ट्रवादी विचारसरणीचे जैत' अशे केले आणि २०४७ मेरेन भारताक विकसित राष्ट्र करपाक काम करपाचे वचन दिले. उपराष्ट्रपती पदाची वेचणूक त्यांनी एकशे बावन मतांच्या फरकान जिंकली. विजया उपरांतच्या त्यांच्या पयल्या भौशिक भाषणात, उपराष्ट्रपतीनी म्हणले कि **Byte**

मोदी 60

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंडाक भेट दितले. उत्तर प्रदेश भेटी वेळार मोदी मॉरिशसाचे प्रधानमंत्री नवीन चंद्र रामगुलाम हांकां आध्यात्मिक शार वाराणसींत येवकार दितले. मॉरिशसाचे प्रधानमंत्री ह्या म्हयन्याचे सोळा मेरेन भारताचे भोंवडेर आसात. काल ते वाराणसी पावले. उपरांत सांजवेळार प्रधानमंत्री मोदी उत्तराखंडांतल्या हुंवार ग्रस्त वाठारांचो हवाई सर्वेक्षण करतले. तशेंच मोदी अधिकाऱ्यां वांगडा उच्च पातळेचेर नियाळ बसकेचे अध्यक्षपदार आसतले

रेल्वे 80

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या अध्यक्षते खाला अर्थीक वेव्हार समितीन चार पदरी ग्रीनफील्ड म्हामार्ग बांदपा खातीर आनी 177 किमी लांबीच्या मार्गाचे दुपदरीकरण करपा खातीर वट्ट 7,616 कोटी रुपयांच्या दोन मुखेल  मुळाव्या साधनसुविधा प्रकल्पांक मान्यताय दिल्या. काल नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हानी  CCEAचे निर्णय जाहीर केले. बिहार, झारखंड आनी अस्तंत बंगालांतल्या भागलपूर-दुमका-रामपुरहाट एकोडया रेल्वे मार्गाचे 177 किलोमीटर लांबीच्या दुपदरीकरणाक मान्यता दिल्या.बिहारांतल्या बक्सर-भागलपूर उच्च गती मार्गाच्या प्रवेश नियंत्रीत मोकामा-मुंगेर विभागाचेर संकरीत वार्षिकी मोडाचेर चार लेन ग्रीनफील्ड म्हामार्ग बांदपाकय सीसीईएन मान्यताय दिल्या अशें मंत्री वैष्णव हांणी सांगलें.

नेपाळ ५०

शेजारच्या देशांत हिंसक संघर्ष  आनी निदर्शनांच्या फाटभुयेर बिहार, उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंडांतल्या भारत-नेपाळ शिमेचेर सुरक्षा वाडयल्या. वेपारी चौकांचेर आनी हेर प्रवेश बिंदूचेर खाशेली नदर दवरल्या. पोलीस आणि सशस्त्र सीमा दल (SSB) सीमापार हालचालींर बारकाईन लक्ष दवरतात. नेपाळांतल्या जनकपूर आनी भारतांतल्या जयनगर हांचे मदली रेल्वे सेवा नेपाळी अधिकाऱ्यांच्या विनंती प्रमाण फुडली  सुचोवणी मेळ मेरेन स्थगीत केल्या.

मेलोनी 65

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी आणि तांची इटालियन सम पदस्थ जॉर्जिया मेलोनी यांनी भारत-इटली धोरणात्मक भागीदारी अधिक घटट करपाक त्यांच्या संयुक्त वचनबद्धतेचो पुनरुच्चार केलो. दूरध्वनीवेल्यान जाल्या संभाषणात, दोन्ही फुडाऱ्यांनी युक्रेनातलो संघर्ष बेगीन सोपोवपाच्या तांच्या' सामायिक हिता खातीर त्यांच्या वचनबद्धतेचो पुनरुच्चार केलो प्रधान मंत्री मोदींनी सोशल मीडिया पोस्टात म्हळां की हे  परस्पर फायदेशीर भारत-ईयू व्यापार कबलात पुराय करपाक आनी

IMEEC उपक्रमा वरवी कनेक्टिव्हिटीक प्रोत्साहन दिवपाक इटलीच्या सक्रिय तेंक्याबद्‌दल ते आभारी आसात.

सिंगापूर 70

भारत आणि सिंगापूरान  नवी दिल्लीत कार्मिक व्यवस्थापन आणि भौशिक प्रशासन या क्षेत्रातले सहकार्य मजबूत करपाक संयुक्त कार्यगटाची बसका घेतली. भारतान आपली केंद्रीकृत भौशिक कागाळ .निवारण आणि देखरेख प्रणाली आणि राष्ट्रीय ई-शासन सेवा वितरण मूल्यांकन पोर्टल सामायिक केले. मजगती सिंगापूरच्या वटेन जीवनातल्या महत्त्वाच्या खीणा मदी नागरिकां क सरकारी सेवा एकठाय करपाक एक डिजिटल प्लॅटफॉर्म लाइफ एसजी सामायिक केला. दोन्ही देशांमधल्या नागरिकांच्या हिता खातीर भौशिक  सेवा वितरण प्रणालींची कार्यक्षमता, पारदर्शकता आणि प्रतिसाद वा डोवप हो या देवाणघेवाणीचो उद्‌देश आसा.

बॅनर्जी 45

मुख्यमंत्री ममता बॅनर्जी हांणी केल्या लष्कराबद्‌दलच्या कथित वक्तव्या संदर्भात कोलकाता उच्च न्यायालयान भारतीय लष्करातल्या  माजी सैनिकांक  आज कोलकातात मैदान परिसरातलतल्या गांधी पुतळ्या सकयल निदर्शनां करपाची परवानगी दिली. हालींच कोलकाता हांगाच्या उदेंत कमांडाच्या लश्करी जवानांनी मैदानांतल्यान तृणमूल कॉंग्रेसीचो तात्पुरतो माची  काडली तेन्ना मुख्यमंत्री ममता बॅनर्जी हांणी कांय टिप्पणी केल्यो.

GST 80

वस्तू आणि सेवा कर (जीएसटी) त केल्या सुधारणांनी इलेक्ट्रॉनिक्स आणि माहिती तंत्रज्ञान मंत्रालयाच्या अंतर्गत येवपी क्षेत्रांक, खास करून ग्राहक इलेक्ट्रॉनिक्स आणि ICT हार्डवेअराक चालना मेळटली. दर कपातीक लागुन नागरिकांक आवश्यक उत्पादना अधिक परवडतली आणि त्याच/बरोबर देशांतर्गत उत्पादन मजबूत जातली, MSME आणि स्टार्ट-अप्सांक तेको मेळटलो आणि डिजिटल इंडिया आणि आत्मनिर्भर भारताची उद्‌दिष्ट साध्य जातली. जीम, सलोन, योगा ह्या सारक्या

भलायके विशयक सेवां वेलो GST कमी केला जाका लागुन आमचे तरणाटे फीट आनी हीट दोनय जातले अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हळां **BYTE**

शाहा 70

गुजरातांतल्या साणंद विधानसभा मतदारसंघांत गृहमंत्री अमित शाहा हानी 66 कोटी रुपयांच्या उदरगत प्रकल्पांचें व्हर्च्युअल उक्तावण आनी बुन्यादी फातर घालो. मतदारसंघाच्या सर्वांगीण उदरगतीचे आश्वासन दितना शाहा हाणी सांगलें की, 2029 मेरेन दर एका साणंद गांवांत उदका पुरवण, रस्ते, भलायकी, नितळसाण आनी वनीकरण अशो मुळाव्यो सुविधा मेळटल्यो.ढोलेरा खाशेलो गुंतवणूक वाठार सुरू जाले उपरांत आनी साणंद भोंवतणी उद्देगीक उदरगतीचे प्रकल्प पुराय जाले उपरांत साणंद गुजरातांतली सगळ्यांत उद्देगीक नदरेन विकसीत जाल्ली तहसील म्हणून उदेतली अशें तांणी सांगलें.

कतार 50

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी कतारचे अमीर शेख तमीम बिन हमद अल थानी हांचे कडेन उलयतना दोहा हांगा जाल्ल्या हल्ल्या विशीं तीव्र चिंता व्यक्त केली. सोशल मिडिया पोस्टांत प्रधानमंत्री मोदी हाणी कताराच्या सार्वभौमत्वाच्या उल्लंघनाचो भारत निशेध करता अशें म्हणलां. संवाद आनी मुत्सद्देगिरी वरवीं प्रस्न सोडोवपाक आनी तणाव वाडपाक आडावपाक नवी दिल्ली आदार दिता अशें मोदी हांणी म्हणलां

काठमांडू 60

नेपाळांत काल काठमांडूंत जाल्ले रॅलींत जेन झी प्रतिनिधींच्या पंगडान अंतरीम सरकाराचें फुडारपण करपा खातीर आदली मुखेल न्यायाधीश सुशीला कार्की हांचें नांव प्रस्तावीत केलें. पूण ह्या प्रस्तावाक लागून असंतोश निर्माण जालो आनी जायते तरणाटे स्थळा भायर जमले आनी ह्या निर्णयाचो निशेध केलो. हिंसक निशेध जाले उपरांत अंतरीम सरकार घडोवपा विशीं चर्चेक गती मेळिल्ल्यान राजधानींत काय शांतताय आयल्या अशें आमच्या खब्राकारान कळयलां.

एनआयसी 70

सांख्यिकी आणि कार्यक्रम अंमलबजावणी मंत्रालयान राष्ट्रीय औद्योगिक वर्गीकरण (एनआयसी) २०२५ च्या मसुद्या चेर अभिप्राय मागयल्यात. राष्ट्रीय औद्योगिक वर्गीकरणाचे महत्त्व आणि ताचो वापर लक्षात घेऊन, सुधारित मसुदो प्रासंगिक आणि वापरकर्ता-अनुकूल उरचो हे खातीर  मंत्रालयान सरकारी संस्था, उद्योग प्रतिनिधी, शैक्षणिक संस्था आणि सामान्य जनतेसया भागधारकांकडच्यान सूचना मागयल्यात. या महिन्याच्या २० तारखे मेरेन ई मेल वरवी अभिप्राय दिव येता. हो मसुदो फामाद शिक्षणतज्ज्ञ, अर्थतज्ज्ञ, उद्योग संघटना आणि हेरांचो आसपाव आशिल्या तज्ञ समितीच्या मार्गदर्शनाखाला तयार केला

स्पोर्ट्स 45

दुबयंत जाल्ल्या आशिया कप 2025 च्या गट अ मॅचींत भारतान युएईचेर 9 विकेटींनी दणदणीत जैत मेळयलें. 58 धांवड्यांचें माफक लक्ष्य गाठताना  भारतान फक्त एक विकेट वगडावन फक्त 4.3 षटकांत जैत मेळयलें. ताचे आदीं पयली गोलंदाजी करपाची निवड करून भारतान फक्त 13.1 षटकांत 57 धांवड्यचेर युएईक बाद केले.

IMD 80

भारतीय  हवामान खात्यान आयज ओडिशाच्या कांय सुवातींनी व्हड ते सामको व्हड प्रमाणात पावस पडपाचो ऑरेंज अलर्ट जारी केला. फुडल्या 2-3 दिसांत अंदमान आनी निकोबार जुंवे, बिहार, उदेंत उत्तर प्रदेश, छत्तीसगड, उदेंत मध्य प्रदेश, झारखंड, दर्यादेग आंध्र प्रदेश, अस्तंत बंगाल, सिक्किम आनी ईशान्य राज्यांत काय सुवातिनी पावस पडपाची शक्यताय आसा. आयज ईशान्येडची राज्या, छत्तीसगड, मध्य प्रदेश, महाराष्ट्र, उत्तराखंड आनी आंध्र प्रदेश ह्या राज्यांत काय सुवातिनी वीजें वांगडा गडगड वादळ जावपाची शक्यताय आसा. दर्यादेग आंध्र प्रदेशात  आयज खर वारें व्हावपाची शक्यताय आसा.